# प्रजासत्ताक दिसानिमतान राज्यपालांचो संदेश

ता. 25 जानेवारी 2022

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक 73 व्या भारतीय प्रजासत्ताक दिसानिमतान परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, आमचे संविधान तयार करपाक योगदान दिल्ले सगळें म्हान फुडारी आनी खास करून भारतीय संविधानाचे शिल्पकार म्हूण वळखूपात येवपी डॉ. बाबासाहेब आंबेडकरांचो आयज आमी कृतज्ञतायेन उगडास करतात. आमच्या संविधानाची उद्देशिका " we the people" लोकांच्या संकल्पपूर्वक निर्धारातल्यान सूरू जाता. आमच्या देशांत लोक श्रेश्ठ आशिल्ल्याचे प्रवर्धीत जाता आनी सगळयांची ताचेर निश्ठा आसा.

प्रजासत्ताक दिस दिनदर्शिकेत ह्या वर्सा 23 जानेवारी हो दीस स्वातंत्र्या खातीर ब्रिटीशाआड पराक्रमी लढो दिल्ले आझाद हिंद फौजेचे संस्थापक नेताजी सुभाषचंद्र बोस हांची जयंती मनोवपाखातीर "पराक्रम दिवस" म्हूण घोशीत केला. राष्ट्र ह्या म्हान फुडाऱ्याचे ऋणी आसा आनी म्हाका खात्री आसा की हो दीस मनयताना युवा पिळगेंक आमच्या राष्ट्रा खातीर कार्य करपाची प्रेरणा मेळटली. ह्या प्रसंगार आमी भारतीय हवाई दळाच्या त्यागाचोय उगडास करतात, जांणी आमच्या देशाचे रक्षण करून भारताची एकजूट आनी प्रादेशीक अखंडताय राखून दवरली.

आमच्या देशान फाटल्या 75 वर्सांच्या काळांत तोखणायेची प्रगती केल्या. सध्या आमी भारतीय स्वातंत्र्याचे 75 वे वर्स "आझादी का अमृत महोत्सव" म्हूण मनयतात. स्वातंत्र्य चळवळ, Ideas at 75, Achievements at 75, Actions at 75 आनी Resolves at 75 ह्या पाच संकल्पनांचेर लोकांच्या सहभागान देशभरांत वेगवेगळे कार्यक्रम आयोजीत करपात येतात. ह्या कार्यक्रमांनी उमेदीन वाटो घेवपाखातीर लोकांमदी सामील जावपाक म्हाका खोशी जाता.

कोवीड-19 म्हामारीचो त्रास आयज लेगीत आमी सहन करतात, पुण यशस्वी वासिनीकरण मोहिमेवरवीं ह्या संसर्गाचेर नियंत्रण दवरपाखातीर आमी आत्मविस्वासान काम करतात. 1.6 बिलियन वासिनाचे डोस दिवपाक आमका शक्य जाला आनी कोवीड-19 म्हामारीचेर नियंत्रण दवरपाक आमी यशस्वी जाल्यात, ही तोखणायेची गजाल जावन आसा. आमच्या हुशार वैज्ञानिकांनी सतत संशोधन करून देशांत ही वासिनां विकसीत केल्ल्यात आनी आत्मनिर्भर भारताची घोशणा यशस्वी करपाक योगदान दिला. जागतिक दर्जाची वखदां आनी वासिनां तयार करपी आमी दुसरे आसात हे आमी संवसाराक दाखोवन दिला.

म्हाका सांगपाक उमेद जाता की 15 ते 18 वर्सां पिरायेच्या भुरग्यांसयत गोंय राज्यांतल्या 98 टक्के पात्र लोकांचे पुराय वासिनीकरण जाला आनी 60 वर्सां पिराये वयल्या लोकांक बुस्टर डोज दिवपाचे सुरू आसा. ह्या प्रसंगार हांव कोवीड-19 म्हामारीतल्यान लोकांक वाचोवपाखातीर मोलादीक सेवा केल्ले सगळें दोतोर, भलायकी कर्मचारी आनी फ्रंटलायन वर्करांक सलाम करता.

गोंय राज्याक सामाजीक सलोख्या खातीर वळखतात. हांगा वेगवेगळयां जाती-धर्मातले लोक एकवटान आनी शांतीकायेन रावतात. सगळयां समाजांकडल्यान सणां-उत्सवांचो आदर जाता आनी मनयतात. शांतीकाय आनी इश्टागत ही गोंयच्या लोकांची परंपरा आसा. गोंयचो हो खाशेलो सांस्कृतीक वारसो सांबाळून दवरपाचो आमी सोपूत घेवया.

राज्यांत नवे सरकार घडोवपा खातीर 14 फेब्रुवारी 2022 दिसा गोंय विधानसभेची वेंचणूक जावपाची आसा. आमचे संविधान तयार करप्यांनी आमकां मतदानाचो हक्क दिला. हो मतदानाचो हक्क बजावप हे प्रत्येक नागरिकाचे कर्तव्य जावन आसा. गोंयच्या मतदारांनी कसलोच भय न बाळगीता आनी पक्षभेद करीनासतना आपलो मतदानाचो हक्क बजावचो. म्हाका खात्री आसा की ह्या वर्सा वेंचणूक मुक्त, मेकळ्या, शांतीकायेच्या आनी सुरक्षीत वातावरणात जातली.

ह्या इतिहासीक प्रसंगार गोंयच्या लोकांक आमच्या संविधानाप्रती चैतन्य भावनेन प्रामाणिक रावन आत्मनिर्भर नवो भारत घडोवपाखातीर समर्पित जावपाचो उलो मारता, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/69

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji